*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं गोवा इंटरनॅशनल ट्रॅव्हल मार्टाचें उकतावण**

ता. 24 ऑक्टोबर 2019

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं काल हडफड्या दोन दिसांच्या गोवा इंटरनॅशनल ट्रॅव्हल मार्टाचें उकतावण जाले. पर्यटन खात्यान आयोजीत केल्ल्या ह्या ट्रॅव्हल मार्टाचो उद्देश हॉटेल वेवसायिक, ट्रॅव्हल कंपन्यांचे जाळवणदार, वेडिंग आयोजक, इको टुरिझम, एडव्हेंचर, वायल्डलायफ, इव्हेंट मॅनेजमेन्ट, व्हेलनेस तशेंच पर्यटन मळाकडेन संबंदीत वेवसायिकांक राज्यांत गुंतवणूक करपाक व्यासपीठ उपलब्ध करून दिवप आसा.

हे वेळार उलयताना मुख्यमंत्र्यान अतिथी देवो भव् ही भारतीय परंपरा आशिल्ल्याचे सांगून गोंयाक न्हय फकत दर्यावेळों जाल्यार पाचवेचार सैमाचीय सोबीतकाय लाभिल्ली आसा, असें सांगले. गोंयान पर्यटन, भलायकी, उद्देग आनी हेर साधनसुविधांच्या मळार बरी प्रगती केल्या. ग्रीनफिल्ड इंटरनॅशनल मोपा विमानतळ 2022 मेरेन पुर्ण जावपाची अपेक्षा आसा. गोंयात फाटल्या आठवड्यात जाल्ल्या व्हायब्रण्ट गोवा-ह्या प्रदर्शन तथा गुंतवणूक परिशदेच्या माध्यमातल्यान राज्यांत गुंतवणूकीक वाव मेळटलो, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

सरकार राज्यात भेट दिवपी पर्यटकांची सरबराय आनी सुरक्षेक प्राधान्य दिता. पर्यटन थळांचेर नितळसाण आनी गरजेच्यो सुविधां उपलब्ध करपाचेर भर दितात. तशेंच हेल्थ, इको-पर्यटनाक सरकार प्रोत्साहन दिता. गोंयात पर्यटन उद्देगाच्या मळार गुंतवणूकीक अनेक सुविधां दितात, अशेंच मुख्यमंत्र्यान सांगले.

उपमुख्यमंत्र्यान गोंय हे जगातले उत्कृश्ट पर्यटन स्थळ आशिल्ल्याचे सांगून गोंयचो सैम, दर्यावेळों, देवळां, चर्चीं तशेंच एडव्हेंचर, नायटलायफ, संगीत, फॅशन, फुटबॉल, उत्सव पर्यटकांक आकर्शित करता,अशें सांगले.

ट्रॅव्हल एण्ड टुरिजम संघटनेचे अध्यक्ष श्री. सावियो मेसिहास आनी पर्यटन सचीव श्री. जे. अशोक कुमार हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

गोंय पर्यटन विकास महामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. निखील देसाय हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/735

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA